**पाणथळ वाठार अधिसुचीत**

**लोकांकडल्यान हरकती, सुचोवण्यों मागयल्यात**

ता. 4 ऑक्टोबर 2023

पाणथळ वाठार (संरक्षण आनी वेवस्थापन) कायदो 2017 प्रमाणे पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्याच्या गोंय राज्य पाणथळ वाठार अधिकारीणीन आंबुलोर तळें (साश्ट), कमला तळें (साश्ट), बेबकी तळें (साश्ट), बाकभाट तळें (साश्ट), मायमोळें तळें (मुरगांव), व्हडलें धाकटें तळें (मुरगांव), लागोवा दे सिमा (साश्ट), मैंगाळ तळें (फोंडा), लामगांव तळें (दिवचल) ही 9 थळां पाणथळ वाठार म्हूण अधिसुचीत केल्यात आनी तशीं अधिसुचोवणी 28 सप्टेंबर 2023 च्या अधिकृत राजपत्रात उजवाडाक हाडून सर्वसामान्य लोकांकडल्यान अधिसुचोवणी मसुद्याचेर 60 दिसांच्या मुजतीत म्हळ्यार 25 नोव्हेंबर 2023 मेरेन हरकतीं आनी सुचोवण्यों मागयल्यात.

चड म्हायती खातीर https://gswa.goa.gov.in चेर भेट दिवची आनी आपल्यो हरकतीं आनी सुचोवण्यों ms-gswa.goa@gov.in चेर धाडच्यो वा हार्ड कॉपी गोंय राज्य पाणथळ वाठार अधिकारीणी, साळगांव सेमिनारी सामकार, गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ, साळगांव, बार्देस गोंय-403511 ह्या नाम्याचेर धाडची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/769

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.